गोंय लोक सेवा आयोग

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी',1लो मजलो, दादा वैद्य रोड, पणजी, गोंय – 403001.

संकेतथळः http://gpsc.goa.gov.in

**जायरात क्रमांक . 07 वर्स 2024**

**12.07.2024 दिसा प्रकाशीत**

सकयल दिल्ल्या पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात.

**सगळ्या पदां खातीर अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 26-08-2024 आसा.**

**ऑनलायन अर्ज करपा खातीर आयोगाचे संकेतथळ https://gpsc.goa.in वा गोंय सरकाराचें पोर्टल https://cbes.goa.gov.in. चेर पळोवचें.**

ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो "सुचोवण्यो" जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां, भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार आनी वरिश्ठ तंत्रिकी विज्ञानीक पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारसीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार,**"सुचोवण्यांनी"** नमूद केल्ल्या प्रमाणें आयोग मुलाखतीक आपोवंक उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

**टीप:-1)** अर्ज योग्य रितीन भरल्या उपरांत, उमेदवारांनी सकयल दिल्ल्या प्रमाणें अर्ज शुल्क भरचें पडटलें.

ए) **ऑनलायन**

- ऑनलायन फारीकणी करची
- यशस्वी स्थिती दाखोवपी ई- पावती डावनलोड करची.

बी) **ऑफलायन**

- ई- चलन निर्माण करचें
- गोंयांत आशिल्ल्या खंयच्याय एसबीआय फांट्यांत फकत निमाणे तारखेक वा ताचे आदीं रोख फारीकणी करची (ई- चलनाची वैधता ई चलन निर्माण जाल्या उपरांत सात दिस मेरेन आसतली)
- ह्या ई चलनाचेर बँकेचो शिक्को गरजेचो आसा.
- अर्ज सादर करपाचे निमाणे तारखेक वा ताचे आदीं आयोगाच्या कार्यालयांत शिक्को मारिल्लें ई-चलन सादर करूंक जाय.

2) फारीकणी यशस्वी जाल्या उपरांतूच उमेदवारांक आपलो अर्ज डावनलोड करूंक मेळटलो.

3) निमाणे तारखे उपरांत शुल्क फारीक केल्लो अर्ज रोखडोच न्हयकारतले आनी हे फारीकणीचो परतावो जावचो ना.

4) अर्जांत उमेदवाराचो ईमेल पत्तो आनी मोबायल क्रमांक चुकनासतना दिवपाक जाय. आयोग उमेदवारांच्या अर्ज संबंदीत सगळे संपर्क ईमेल पत्याचेर/ मोबायल क्रमांकांतल्यान धाडटले. सगळ्या उमेदवारांक तांच्या अर्जा संबंदीत अद्यावत/ कळोवणी खातीर तांचे ईमेल खातें/मोबायल फोन/ आयोगाचें संकेतथळ नेमान तपासपाचो सल्लो दितात.

**टिप: जायरातीचे अणकारींत आवृत्तीत इंग्लीश आवृत्ती परस खंयच्योय विसंगती दिसल्यो जाल्यार त्यो प्रामाणीत मानतले.**

## I.भौशीक भलायकी खातें

### भलायकी सेवा संचालनालय

वरिश्ठ चिकित्सक (Senior Surgeon) प्रतिनियुक्तीचेर बदली करून ….. 2 पदां

(अनारक्षीत) (3रे फावटी)

वेतन श्रेणी: रू.15,600-39,100+6,600/-(पूर्व-सुदारीत)(सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें)

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक:– केंद्र/ राज्य सरकार प्रशासनाचे अधिकारी

(a) (i) नेमान समान पदाचेर आशिल्ले; वा

(ii) रू. 8000-275-13500 (पूर्व- सुदारीत) प्रमाणांत 5 वर्सां नेमान सेवेंत आशिल्ले आनी

(ब) थेट भरती जावप्यां खातीर थारायिल्ली शिक्षणीक पात्रताय आनी अणभव आशिल्ले.

(i) भारतीय वैजकी कायदो, 1956( 1956 चो 102) चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II( सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 च्या कलम 13 पोट कलम (3)त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) पदव्युत्तर पदवी नासल्यार, त्या क्षेत्रांतली विशेश पदविका. (iii) पदव्युत्तर पदवी मेळयल्या उपरांत संबंदीत विशेशतायेंत 3 वर्सां वा पदव्युत्तर पदविका उपरांत 5 वर्सां जापसालदारकेच्या पदाचेर काम केल्लें आसूंक जाय .

## II. गृह खातें (सामान्य)

### गोंय पुलीस खातें

1. विज्ञानीक अधिकारी (डीएनए), फॉरेन्सीक सायन्स प्रयोगशाळे खातीर (Scientific Officer (DNA),for Forensic Science Laboratory) प्रतिनियुक्तीचेर बदली वरवीं ...1 पद (अनारक्षीत) (2रे फावटी)

वेतन श्रेणी: सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो-10 प्रमाणें

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक: राज्य/केंद्रीय फॉरेन्सीक सायन्स प्रयोगशाळेंत अनुरूप पदाचेर आशिल्ले अधिकारी.

2. फॉरेन्सीक सायन्स प्रयोगशाळे खातीर संचालक (Director for Forensic Science Laboratory), प्रतिनियुक्तीचेर बदली/समावेशना(Absorption)वरवीं ...1 पद (अनारक्षीत)

वेतन श्रेणी: सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो-13 प्रमाणें

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक: राज्य/केंद्रीय फॉरेन्सीक सायन्स प्रयोगशाळेंत अनुरूप पदाचेर आशिल्ले अधिकारी.

(प्रतिनियुक्तेचो काळ सादारणपणान तीन वर्सां परस चड आसचो ना).